Panaji National 1st April 2026 8.40am

- प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हाणी गुजरातांतल्या वाव-थराड जिल्ह्यांत सुमार वीस हजार कोटी रुपयांचे उदरगत प्रकल्प सुरू केले; अस्तंत आशियांतल्या संघर्शाचो परिणाम नागरिकांचेर जावपाक सरकारान दिवंक ना अशे तांणी म्हळें.

- जनगणना-2027 चो पयलो टप्पो आयच्यान सुरू जाता. आयज सावन मुखेल कर आणि बँकिंग सुधारणा लागू जाता.

- देशभरांत पीएनजी विस्ताराची गती तिगोवन दवरपा खातीर सरकारान नॅशनल पीएनजी ड्रायव्ह 2.0 30 जून 2026 मेरेन वाडयला.

- 2 ते 3 सप्तकां भितर इराणा आडचे झूज सोंपयतले अशें अमेरिकेचे राष्ट्राध्यक्ष डोनाल्ड ट्रम्प हांणी सांगलां.

- आयपीएल क्रिकेटांत काल रातीं जाल्ले सर्तीच्या चवथ्या मॅचींत पंजाब किंग्सान गुजरात टायटन्साचेर तीन विकेटींनी जैत जोडले.

PM Gujarat

अस्तंत आशियांत संघर्श आसून लेगीत भारताची परिस्थिती नियंत्रणांत आसा अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी सांगलां. मोदी हाणी काल गुजरातांतल्या वाव-थराड जिल्ह्यांतल्या नानी हांगा 19,800 कोटी रुपयां परस चड मोलाच्या उदरगत प्रकल्पांचें उक्तावण केले आनी बुन्यादी फातर घालो. त्या वेळार ते उलयताले. अस्तंत आशियांतल्या संघर्शाचो परिणाम सरकारान देशांतल्या नागरिकांचेर केंद्र जावंक दिवंक ना अशें तांणी सांगलें.

ह्या वेळार उलयतना मोदी हांणी सांगलें, आयज सुरू केल्ले प्रकल्पांक लागून जोडणी सुदारतली आनी ह्या वाठाराच्या समाजीक-आर्थीक उदरगतीक चालना मेळटली.

प्रधानमंत्र्यान सानंदांतल्या केयन्स Technology च्या OSAT प्लांटाचेंय उक्तावण केलें. सेमीकंडक्टर क्षेत्रांत भारत एक मुखेल भागीदार म्हूण उदेता अशेंय तांणी ह्या वेळार उलयतना सांगले.

Census 2027

जनगणना-2027 चो पयलो टप्पो आयच्यान सुरू जाता. जनगणना-2027 ही संवसारांतली सगळ्यांत व्हडली जनगणना आसतली. पयलेच खेपे डिजिटल रितीन जनगणना जातली आनी Self-Enumeration चोय पर्याय आसतलो. Self-Enumeration आयज सावन 15 एप्रील मेरेन जातली. अंडमान आनी निकोबार जुंवे, NDMC वाठार आनी दिल्ली कँटोनमेंट बोर्ड, गोंय, कर्नाटक, लक्षद्वीप, मिझोराम, ओडिशा, आनी सिक्किमात 16 एप्रील ते 15 मे मेरेन एक म्हयनो घरांचे listing आनी घरांची मेजणी जातली.

Self-Enumeration ही सुरक्षीत, वेब आदारीत सुविधा आसा जे वरवीं व्यक्तींक घर-घर सर्वेक्षण करचे पयलीं 16 भाशांनी आपली म्हायती ऑनलायन सादर करपाक मेळटा. जनगणनेचो दुसरो टप्पो-म्हळ्यार जनसंख्या गणना -फुडल्या वर्सा फेब्रुवारींत जातली. केंद्र सरकारान जनगणना-२०२७ खातीर ११ हजार ७१८ कोटी रुपयां वयर निधी मंजूर केला.

New

आयज नव्या अर्थीक वर्स सुरू जाल्ल्यान जायत्यो सुदारणा-आर्थीक नेमांत म्हत्वाचे बदल लागू जाता……………….

West Asia

देशभरांत पीएनजी विस्ताराची गती तिगोवन दवरपा खातीर सरकारान नॅशनल पीएनजी ड्रायव्ह 2.0 30 जून 2026 मेरेन वाडयला. तशेंच, घरगुती PNG जोडण्यो दिवपाच्या प्रक्रियेक गती दिवपाचे निर्देशूय सरकारान शारांतल्या गॅस वितरण संस्थांक

दिल्यात. मार्च म्हयन्यांत घरगुती, वेवसायीक, वसतीघर, मेस, कॅन्टीन सयत 3.1 लाखां परस चड जोडण्यो गॅसिफाय केल्यात अशें पेट्रोलियम आनी सैमीक वायू मंत्रालयान सांगलां. ते भायर 2.7 लाखां परस चड नव्यो जोडणयो दिल्यात आनी गॅसिफाय करपाचें काम सुरू आसा. मंत्रालयान दिल्ल्या म्हायती प्रमाण, 1 मार्चा सावन दर दिसा सरासरी 5 लाखां वयर घरगुती एलपीजी (LPG) सिलिंडर्सचे वितरण केला.

देशांत पेट्रोल, डिझेल, LPG आणि PNG हांचो फावो तो सांठो आसा अशें आश्वासन सरकारान दिलें. ते भायर राज्यांक आनी केंद्र शासित प्रदेशांक अचूक म्हायती प्रसारीत करपाक सांगलां.

EAM Portugal
परराश्ट्र मंत्री डॉ एस जयशंकर हांणी आयज सांजवेळा पोर्तुगालचे परराश्ट्र मंत्री पावलो Rangel हांचे कडेन चर्चा केली. दोनूय वटांनी अस्तंत आशियांतल्या संघर्शाचेर विचारांची देवाणघेवाण केल्ल्याचें डॉ जयशंकर हांणी सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत सांगलां. भारत आनी पोर्तुगाल हांचे मदलो द्‌विपक्षीय सहकार आनीक घटमूट करपा विशींय तांणी चर्चा केली आशे तांनी नमूद केले.

Def
संरक्षण मंत्रालयान काल नवी दिल्लींत भारतीय वायुसेने खातीर दोन माउंटेन रडार खरेदी करपा खातीर भारत इलॅक्ट्रॉनिक्स लिमिटेड कंपनी कडेन 1 हजार 950 कोटी रुपयांचो करार केला. खरेदी (भारतीय-देशी Designed, विकसीत आनी निर्मिती) वर्गा खाला केल्ली ही कबलात सरकाराच्या आत्मनिर्भर भारत आनी मेक इन इंडिया उपक्रमां प्रमाण आसा अशी म्हायती मंत्रालयान दिल्या.

GSL
जीएसएल म्हणजेच गोवा शिपयार्ड लिमिटेडान काल भारतीय नौदलाखातीर 'नेक्स्ट जनरेशन ऑफशोर पेट्रोल व्हेसल' (NGOPV) श्रेणीतले आयएनएस 'शची' चे औपचारिक जलावतरण केले, तसेच भारतीय तटरक्षक दलाकडे आयसीजीएस 'अचल' सुपूर्द करून एक महत्त्वपूर्ण कामगिरी नोंद केली.

ह्या दोनूय वाटचिऱ्यांक लागून जीएसएलची उत्तम अंमलबजावणी क्षमता आणि वाढती उत्पादन क्षमता दिसून येता अशे ‘जीएसएल’चे अध्यक्ष आणि व्यवस्थापकीय संचालक ब्रजेश कुमार उपाध्याय हाणी नमूद केले.

USA

अमेरिकेचे राष्ट्राध्यक्ष डोनाल्ड ट्रम्प हांणी 2 ते 3 सप्तकां भितर इराणा आडचे झूज सोंपयतले अशें सांगलां. अमेरिकन लष्कराची 'ऑपरेशन एपिक फ्युरी' (Operation Epic Fury) ही मोहीम बेगीन सोंपतली अशें ट्रम्प हांणी पत्रकारां कडेन उलयतना सांगलें. ह्या वातारातल्यान फाटी सरचे आदि इराणा कडेन आशिल्ली दरेक गजाल पुरायपणान नश्ट करपाची अमेरिकेची इच्छा आसा अशें ट्रम्प हांणी मुखार सांगलें. झुज सोंपचे पयलीं ताणें संभाव्य समजिकाय जावपाची संकेत दिले.

हाचे आदीं अमेरिकेचो विदेश सचीव मार्को रुबियो हाणें अमेरिकेचो हेत पयल्या दिसा सावन सामके स्पश्ट आशिल्ले अशें सांगिल्लें.

IMD

भारतीय हवामान खात्यान आज महाराष्ट्र आनी तेलंगणाचेर गडगड आनी गार वादळाचो अदमास उक्तायला. झारखंड, मध्य प्रदेश, ओडिशा, उदेंत राजस्थान, कोंकण आनी गोंयांत आयज गडगड आनी वीज पडटली.

IPL

आयपीएल क्रिकेटांत काल रातीं न्यू चंडीगढांत मुल्लनपूर हांगाच्या महाराजा यादविंद्र सिंग आंतरराष्ट्रीय क्रिकेट स्टेडियमांत जाल्ले सर्तीच्या चवथ्या मॅचींत पदार्पण करपी कूपर कॉनॉलीन कॉनलीच्या नाबाद ७२ धांवड्याच्या नेतार पंजाब किंग्सान गुजरात टायटन्साचेर तीन विकेटींनी जैत जोडले. ताचे आदीं, पयली बॅटिंग करतना गुजरात टायटन्सन निर्धारित २० षटकांत ६गडे बाद १६२ धावडयो केल्यो. कूपराक Player of the Match घोषित केलो.

आयज लखनौत भारत रत्न श्री अटल बिहारी वाजपेयी एकाना  क्रिकेट स्टेडियमांत आयपीएल क्रिकेट सर्तींतल्या पांचव्या मॅचींत लखनौ सुपर जायंटस  दिल्ली कॅपिटल्स आड खेळटले. सांजवेळा 7:30 वरांचेर मॅच सुरू जातली.

Hockey

सोळावी हॉकी इंडिया नॅशनल सब-जूनियर महिला हॉकी चॅम्पियनशिप 2026 आयज रांचींत सुरू जातली आनी ती ह्या म्हयन्याच्या 12 तारखे मेरेन चालू आसतली.